आकाशवाणी पणजी

केंद्रांच्या प्रादेशीक खबरां विभागावरवीं ह्यो आसात प्रादेशीक खबरों:

---

१)आयज पुराय देशभर भारताच्या स्वतंत्रतायेचे चळवळींतले म्हान फुडारी नेताजी सुभाषचंद्र बोस हांची १२८ वीर जयंती पराक्रम दीस म्हण मनयतात.देसभावंडांनी नेताजी सुभाषचंद्र बोस हांची प्रेरणा घेवनविकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर वावुरचें असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला.नेताजी बोस हांचें सावन उर्बा घेवन जगांतली तिसरी सगळ्यांत व्हड अर्थ वेवस्था घडोवपाच्या देशाचें वचनबध्दतायेचो प्रधानमंत्र्यानी परतून एकदां उल्लैख केलो .विकसीत भारताचें ध्येय गाठपाखातीर देसभावंडानी सदांच वावर करीत रावचें अशेंय ताणी सांगलें.नेताजी सुभाशचंद्र बोस हांची स्वतंत्रतायेचे चळवळीक दिल्या योगदानाची याद काडून प्रधानमंत्र्यानी मुखार म्हळें कीं लोकांनीं कम्फर्ट झोनांत्यान भायर सरून देसाच्या स्वतंत्रतायेखातीर आव्हानां स्विकारिल्ल्या नेतांजिंच्या कार्य क्षमतेचेर लक्ष केंद्रीत करुन उत्कृश्ठता अवलंब करुक जाय अशें सांगून प्रधान मंत्र्यानी देशाच्या एकवठाचेर भर दिलो.देसाची स्थिती बिकट करुंक वावुरतल्यांसावन शादूर रावचें अशेंय ताणी म्हळां.नेताजिंचे यादीक सरकारान लाल किल्लोय बांदिल्लो आसा,इंडिया गेटलागीं नेताजिंचो पुतळोय उबारिल्लो आसा,तशेंच,अंदमान निकोबारांतल्या जुंव्याक नेताजींचें नांव दिल्लें आसा अशीर म्हायती ताणी दिली.इतले मजगतीं,राष्ट्रपती द्रोपदी मुर्मू,उप राष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणीय नेताजी हांकां आर्गा ओंपली.

---

२)भारतावांगडा परतून वेपार सुरु पाकिस्तानांत कडेन कसलीच उलोवणी जावंक ना अशें विदेश वेव्हार मंत्री डो.एस.जयशंकर हांणी सांगलां.२०१९ वरसा पाकिस्तानाच्या प्रशासनानच भारताकडेन वेपार बंद करपाचो निर्णय घेतिल्लो अशें डो.एस.जयशंकर हांणी वोशींगटन डिसींत पत्रकारालागीं उलयतना सांगलें.

---

३)मुंबय पुलिसानी गेंगस्टर छोटा राजनाच्या मुखैल सांगात्यां मजगतच्या डी.के.राव हाका एका खंडणीच्या प्रकरणांत फरार आशिल्ल्या स सांगात्यांसयत आयज अटक केल्या.मुंबयच्या क्रायम

ब्रांच खंडणी आडच्या विभागाकडलयान मेळिल्ले म्हायती प्रमाण संबंदीत आरोपीनी एका होटेल धनयांकडलयान अशेंच कोटी रूपयांची मागणी केल्ली.मुंबय पुलिसांनी सगल्या आरोपींआड एप.आय.आर.दाखल केला.

---

पंजाबाच्या भलायकी विभागान राज्यांतल्या घुंवळे वखदांच्या समस्येआड झुंजपाखातीर नार्कोटिक्स अनोनिमसाक सहकार्य करपाचें थारायलां.पंजाबचे भलायकी तशेंच भलायकी कुटूंब कल्याण मंत्री डो.बलबीर सींग हांणी काल एन.जी.ओ.च्या राज्य पावंड्या वयलया वांगडी आनी भलायकी खात्याच्या अधिकार्यावांगडा घेतिल्ले बसकेची यजमानकी चलयतना ही म्हायती दिली.पंजाबांतलया ह्या वाडल्या धोक्याविशीं उलयतना हें पावल लोकांमदले समज आनी गैरसमजपयस करपाक मजत करतलें अशें डो.सींग हांणी म्हळां.तेचप्रमाण सहानुभूतीआनी आनी समजूतदारपणा वाडोवपाक ड्रग वेसनाविशीं उक्ती आनी प्रामाणीकपणा न भासाभास करपाक उर्बा मेळटली अशेंय ताणी मुखार सांगलें.

---

भारतीय हवामान खात्यान जम्मू काश्मीर लढाख,गिलगीट बालटिस्तान मुझफ्फराबाद तशेंच हिमाचल प्रदेशांत फाल्यां मेरेन कुडकुड्याचें शींय पडटलेंअसो अदमास उक्तायला.झारखंड आसाम,मेघालया,नागालेंड,मिझोराम,,मणिपूर,त्रिपुरा राज्यांत आयज राती, फाल्या सकाळीं,दाट धुकें पडपाची शक्यताय हवामान खात्यांत उक्तायल्या.तेच प्रमाण अस्तंत बंगाल,सिक्किम बिहार,आनी ओदिशा राज्यांतय दाट धुकें पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान परगटायल्या.

---

नवी दिल्लीत 26 जानेवारी 2025 दिसा कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनाच्या सांस्कृतीक मिरवणूकीत गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करतले. नवी दिल्लीत प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन गोंयच्या चित्ररथाचे प्रदर्शन जातले.

स्वर्णिम भारत, विरासत और विकास म्हळ्यार सुवर्ण भारत, वारसो आनी विकास, ह्या संकल्पने वयल्या गोंयच्या चित्ररथा वरवीं राज्याचो सांस्कृतीक वारसो आनी प्रगतीचे दर्शन घडोवपात येतले. गोंयचो चित्ररथ तयार करपाचे काम नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात लागी लागी पुर्ण जाल्ले आसून कुशळ कारांगिरांचो पंगड चित्ररथ तयार करपाचे काम करतात. ह्या पंगडात चित्रकार, सुतार, पेंटर, फॅब्रिकेटर आनी हेरांचो आसपाव आसा. राजपथार 23 जानेवारीक चित्ररथांची रंगीत तालीम जाली. गोंयच्या चित्ररथावांगडा राज्याच्या वेगवेगळ्या वाठरांतले लोककलाकांर सहभागी जातले.

-----------